आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरविभागा

१००

भारत आनी जॉर्डन  द्विपक्षीय संबंद इतिहासीक विस्वास आनी फुडाराच्या अर्थीक संदांचेर आदारिल्लो आसा. अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारत-जॉर्डन व्यापार मंचात मार्गदर्शन  करतना सांगले . ताणी जॉर्डनाचो राजा दुसरो अब्दुल्ला इब्न अल हुसेना वांगडा  दोनूय देश सहकार्य वाडोवपाक शकतात, आनी भूगोलाक संद कशी उदरगतींत रुपांतरीत करूं शकतात हाचेर सविस्तर चर्चा केली .

जॉर्डनाची भौगोलिक सुवात, हेर देशां कडेन मुक्त वेपार कबलाती आनी भारताची अर्थीक क्षमता आनी आधुनीक उद्देग दक्षिण आशियाक मध्य उदेंत, आफ्रिका आनी युरोप हांचे कडेन जोडपी अर्थीक मार्ग जावपाची तांक आसा अशें जॉर्डनाचो राजा दुसरो अब्दुल्ला इब्न अल हुसेन हांणी  सांगलें.तशेच  भारत आनी जॉर्डन मदीं वेगवेगळ्यो समजीकायेच्यो कबलाती जाल्यो .

उपरांत प्रधानमंत्री मोदी इथिओपियाक भेट दितले .

१५५

लोकसभेने निरसन आणि सुधारणा विधेयक विचारा खातीर आनी मान्यताये खातीर हातांत घेतला. ह्या विधेयकांत कांय कायदे रद्द करपाची आनी हेर कांय कायद्यांत दुरुस्ती करपाची तरतूद आसा. कायदे  खात्यान कालबाह्य कायदे रद्द करपाचो यत्न हे

विधेयकांतल्यान केला अशे कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगलें.

केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज लोकसभेंत ‘विकसीत भारत - रोजगार आनी उदरनिर्वाह हमी अभियान विधेयक सादर केले .  वीस वर्सां आदल्या महात्मा गांधी

राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी कायदो 2005 मनरेगाचे सुवातेर हें विधेयक येतलें. ह्या विधेयकांतल्यान गांवगिऱ्या कुटुंबांक 125 दिसांच्या मजुरीच्या  रोजगाराची हमी मेळटली. कामगारांक चड हमी, बरे वेतन , कामाच्या सुवातेर संरक्षण, वेतनची चड पारदर्शक अंमलबजावणी हो ह्या नव्या विधेयकाचो हेतू आसा अशें सरकारान सांगलां.मजगतीं, मनरेगाचें नांव बदलपाच्या सरकाराच्या निर्णयाचेर काँग्रेस फुडारी प्रियंका गांधीन खर टिका केली.

वित्तमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आयज लोकसभेंत 'सबका बीमा सबकी रक्षा विधेयक, 2025' मांडले. हें विधेयक सभाघरांत मांडटा आसतना डीएमके आनी तृणमूल काँग्रेसी सयत विरोधी पक्षांनी ह्या विधेयकाक विरोध केलो.

१०५

आयज राज्यसभेंत वेंचणूक सुदारणे विशीं चर्चा परतून सुरू जाली. (SIR) म्हल्यार खाशेले सखोल पुनरीक्षण हे  वेंचणूक आयोगाच्या घटनात्मक अधिकारांचो भाग आसा . . वेळावेळार वेंचणूक नोंदी सुदारप सयत तातूंतल्यो चुको सुदारप हें आयोगाचें कर्तव्य आसा. तशेंच खंयच्याच पात्र मतदाराक वेंचणूक वळेरेंतल्यान वगडावचो न्हय आनी खंयच्याच अपात्र मतदाराचो  वेंचणूक वळेरेंत आस्पाव करचो न्हय अशेंय संविधानांत सांगलां अशें श्री नड्डा हांणी सांगलें. मजगती देशांतल्या राज्य सरकारांनी दोन कोटी परस चड अपात्र आनी बनावट रेशन कार्डां रद्द केल्यांत अशी म्हायती गिरायक वेव्हार मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी दिली. देशांतल्या भौशीक वितरण पद्दतीचो लावाथ्यांक योग्य फायदो मेळचो हे खातीर 99 टक्क्यां परस चड रेशन कार्डां आधारा कडेन जोडल्यात अशें ताणी सांगलें.

45

1971 वर्साच्या झुजांत पाकिस्तानाचेर भारतान ळईल्ल्याजैताचो उगडास करपा खातीर आयज देशांत विजय दिस मनयतात.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सीपी राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, घरमंत्री अमित शाह आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी तशेच राज्यसभेन लेगीत आयज 54व्या विजय दिसा निमतान बलिदान दिवपी वीर हुतात्म्यांक आर्गां ओपल्यात . Bytes

३५

संवसारीक अनिश्चितताय आसून लेगीत भारतान फाटल्या 7 म्हयन्यांत दर्यावेल्या मळर सुमार 20 टक्क्यांनी वाड नोंद केल्या आनी नुस्त्याच्या निर्यातींत विविधताय हाडपा खातीर सरकार सातत्यान वावुरता अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. Bytes

60

कोंकण रेल्वेन अभियांत्रिकी कामगिरी आनी प्रवासी केंद्रीत उपक्रमां वरवीं आपली परिवर्तनकारी वाड उजवाडाक हाडल्या. 2024-25 वर्सा कोंकण रेल्वेन दिसाक सरासरी 55 प्रवासी गाडयो आनी 17 मालगाडयो चलोवन वीस हजारांवयर प्रवासी आनी स हजारांवयर मालवाहतूकीची नोंद केल्या . मुंबय सीएसएमटी-मडगांव वंदे भारत एक्सप्रेस सयत नवी सेवा सुरू जाल्ल्यान जोडणी आनीक घटमुट जाल्या.गोंयांत फाटल्या तीन वर्सांत प्रवाशांच्या सुविधांनी लेगीत व्हड बदल जाल्यात.

.भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन उत्तर प्रदेश आनी मध्य प्रदेशात दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला . तशेच फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी दाट धुकें पातळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला.

आयज दुबयंत सुरू आशिल्या  19 वर्सां सकयल्या आशिया कप क्रिकेट सर्तींत भारतान मलेशियामुखार जैताखातीर 409 धांवड्यांची मोख दवारला . निमाणी खबर मेल्ली तेन्ना मलेशियान षटकात गडे व्हग्दावून धांवड्यांकेल्यात

इत्ल्यान हयो राष्ट्रीय खाब्रो सोपल्यो आमचे मुखावेले खब्रापत्र तुमका आईकुपाक मेलतले फाल्या सकाळी 8 जावव ४० मिनितांचेर